**Panaji regional news 21.09.2025.7.20pm**

फुडले पिळगेच्यो  जीएसटी सुदारणा फाल्यां सावन नवरात्रेच्या पयल्या दिसा लागू जातल्यो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आयज सांजवेळार राष्ट्राक उद्देशून उलोवप करतना  मोदी हांणी सांगलें, फाल्यां सावन जीएसटी बचत उत्सव सुरू जातलो आनी लोकांक आपल्या आवडीच्यो वस्तू उण्या दरांत विकत्यो घेवंक मेळटल्यो. या सुधारणांक लागून देशाच्या विकासाची गाथा बदलतली आणि  तरणाटे, नवमध्यम वर्ग, शेतकार, बायलो, आनी उद्देजकांक ह्या बचट उत्सवाचो व्हड फायदो जातलो अशें तांणी सांगलें. राष्ट्राच्या उदरगतीच्या प्रवासांत दरेक राज्य एक समान भागीदार आसतलें हाचेर तांणी भर दिलो.फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां, बचत उत्सव आनी नवरात्रा खातीर तांणी राष्ट्राक परबीं दिली.तांच्या सरकारान कर वेवस्था सोपी केल्या अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. आपल्या सरकारान  2014 वर्सा सत्तेर आयले उपरांत राज्यां आनी भागधारकां कडेन सल्लोमसलत करून जीएसटीक प्राधान्य दिल्ल्याचें तांणी नदरेक हाडलें.नागरिक देवो भवः ह्या मंत्रान आपलें सरकार मुखार वता अशें मोदी हांणी सांगलें.

**सदानंद तनावाडे**

पीएचसी मयेम हांणी आयज ग्राम पंचायत हॉल, मयेम हांगा आयोजीत केल्ल्या भलायकी शिबिरांत नारी साशक्त परिवार अभियाना खाला. राज्यसभा वांगडी सदानंद तनावाडे, मयेम आमदार, प्रेमेंद्र शेट, बिचोलीम आमदार डॉ.चंद्रकांत शेतये, गोंय भाजपा अध्यक्ष दामोदर नायक हांणी शिबिराचें उक्तावण केलें. ह्या कार्यक्रमांत उलयतना आर. मयेम आमदार प्रेमेंद्र शेट, बिचोलीम. तशेंच आमदार डॉ.

फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांचो एक भाग म्हूण गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय गिरायक हेल्प लायनीचेर जीएसटी कागाळी निवारण सुविधा सुरू केल्या. सोमारा सावन लागू जावपी सुदारीत जीएसटी दर आनी सुट चालीक लायल्या

उपरांत एकीकृत तक्रार निवारण यंत्रणा - INGRAM पोर्टलाचेर गिरायक कागाळींचो निराकरण सुरू केला अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां. या श्रेणीत ऑटोमोबाईल, बँकिंग, गिरायकपयोगी वस्तू, ई-कॉमर्स, FMCG आणि हेर प्रमुख उप-श्रेणींचो आस्पाव आसा जंय जीएसटी संबंदीत कागाळी नोंद जातली. आतां गिरायकांक टोल फ्री क्रमांक 1915 वा INGRAM पोर्टला वरवीं सतरा भाशांनी आपल्यो कागाळी नोंद करपाक मेळटात अशें मंत्रालयान सांगलां.

**लायन्स इंटरनॅशनल**

लायन्स इंटरनशनल प्रांत 317 बी च्या, भांगरा महोत्सव वर्साच्या निमतान पयलेच खेपे रवींद्र भवन, मडगाव हांगा 22 सप्टेंबर, 2025 दिसा सांजवेळा 4 वरांचेर गोय आणि कर्नाटका प्रांत व्यापी शिक्षक अभिनंदन सुवालो घडोवन हाडला. लायन्स 317 बी प्रांता वतीन प्रांत राज्यपाल  लायन जयआमोल नायक हे गोय आणि कर्नाटकांतल्या सुमार 50 नामनेच्या लायन्स क्लबांनी नामांकीत केल्ल्या 50 समर्पित शिक्षकांचो भोवमान करतले. ह्या कार्यावळीक  मुखेल सोयरे म्हणून गोवा समग्र शिक्षा, शिक्षण संचालनालयचे राज्य समन्वयक जॉन सिल्वेरा, हे हाजिर  आस्तले आनी  गोवा जलतरण संघटणेचे अध्यक्ष  योगीराज दिगंबर कामत हे मानचे सोयरे म्हणून हाजिर  आस्तले तशेच रविंद्र भवन मडगावचे अध्यक्ष  राजन तालक, हे खाशेले सोयरे म्हणून ह्या कार्यावळीक हाजिर आस्तले.

कलाकार रॉक डायस

मडगाव:  कोंकणीतले म्हालगडे तियात्र कलाकार रॉक डायस  हे काल शेनवारा संवसाराक अंतरले. तांची पिराय ७३ वर्सां आसली.

एक उत्कृश्ट कलाकार आनी गायक म्हणून ताणी आपली सुवात मेळयल्ली. ते राय हांगा रावताले.

१६ मे १९५२ दिसा जल्मल्ल्या डायस हाणी ज्यो पेरी हांच्या ‘बॉम्बोयकान’ ह्या तियात्रातल्यान  माचयेर पदार्पण केलें. ‘जुरामेंत’, ‘हाव एकलोच’, ‘तुकाच लागोन’, ‘गोवाय ना’ हे तांचे कांय नामनेचे तियात्र. ज्यो पेरी, सी. अलवारीस, प्रेम कुमार,

जुजे रोझ, अनिल कुमार आनी हेर नामनेच्या दिग्दर्शकांच्या तियात्रांनी ताणें काम केल्ले.

1 हजारां परस चड गितां सादर केल्ल्या डायस हाणी आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचेरूय गितां सादर केल्यात. गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा  हाणी डायस हांच्या मरणा विशीं दुख्ख उक्तायलां

सुभाष फळ देसाई

फोंडाच्या हॉटेल मिनीनो एक्झिक्युटिवांत अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर गोवा राज्य बुध्दिबळ चाम्पियनशीप  आयोजीत केल्ली. ही सर्त आंतरराश्ट्रीय पर्पल फेस्ट गोवा 2025 चो एक भाग म्हणून आयोजित केल्या.ह्या सर्तीचें उक्तावण समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाई हांणी आज फोंडा हंगा केलें. ही सर्त आयतारा 21 ते मंगळारा 23 मेरेन जातली.  ह्या कार्यावळीक खास आमंत्रित म्हणून गोवा राज्य खेळां संचालक डॉ.अजय गावडे, गोवा राज्य बुध्दिबळ असोसिएशन फॉर पर्सन विथ डिसाबिलिटीजचे अध्यक्ष संजय बेरुरकार, इव्हेंट डायरेक्टर डॉ. केतन भाटीकर. संजय कवळेकर आणि समीर नाईक आदी मान्यवर हाजिर  अशिल्ले.  समाई प्रज्वलित करून मानेस्तांनी सर्तीचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार उलयतना मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें की, गोंयांत 9 ते 12 ऑक्टोबर मेरेन आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्ट  आयोजीत केला .हाचो एक भाग म्हूण दिव्यांग जना खातीर जायत्या सुवातींनी वेगवेगळे खेळां कार्यावळी चालीक लावपाक आयल्यात. पर्पल फेस्ट महोत्सव अपंगत्व आशिल्ल्यां खातीर क्रांती जावन मुखार सरपाक लागला . सगळ्यांनी ह्या महोत्सवांत वांटो घेवचो अशी विनंती मंत्री फळदेसाय हांणी केली. तशेंच गोंय सरकार अपंगत्व आशिल्ल्यां खातीर आनी समाज कल्याणा खातीर वेगवेगळे उपक्रम चालीक लायता अशेंय तांणी सांगलें.तशेंच ही अद्वितीय बुध्दिबळ सर्त अपंगत्व आशिल्ल्यां खातीर डॉ. केतन भाटीकर हाणी मुखार सरून आयोजित केल्याबद्दल तांचे  उपकार मानले.

उत्तर गोंय जिल्लो न्यायदंडाधिकाऱ्यांनी 25 सप्टेंबर 2025  दिसा आयोजीत केल्ल्या विधानसभा अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरेच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोंवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या वाठारांतली

खंयचीय भौशीक सुवात, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयचेय उकते सुवातेचेर पांच वा चड व्यक्ती एकठांय येवपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं,तरसादीं, भाले वा सुरा ह्या  सारकीं शस्त्रां बाळगुपाक, लावडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणा दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.

२० ते २८ नोव्हेंबर मेरेन गोंयांत वर्सुकी आयोजीत जावपी ईफ्फी म्हळ्यार आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या ५६ व्या आवृत्ती खातीर -iffigoa.org ह्या अधिकृत संकेतथळार प्रतिनिधी नोंदणी सुरू जाल्या. फाटल्या वर्सा सुमार १० हजार प्रतिनिधींनी चित्रपट विद्यार्थी म्हूणआनी वेवसायीक म्हूण दरेकीं १२०० प्रतिनिधींनी ह्या महोत्सवा खातीर नोंदणी केल्ली.फिल्म वेवसायीक आनी चित्रपट मोगी लोकांनी जीएसटी सयत १ हजार १८० रुपयां भरून डेलिगेट पास मेळोवपाक अर्ज करूं येता. विद्यार्थ्यांनी लेगीत, प्रतिनिधी म्हूण अर्ज करूं येता. विद्यार्थी नोंदणी खातीर शुल्क आकारचें नात. भारतीय पॅनोरमा विभागांतले २५ वेंचून काडिल्ले फीचर फिल्म आनी २० बिगर फीचर फिल्मां भायर १०५ सहभागी देशांतल्यान २७० वयर चित्रपटांचें प्रदर्शन पळोवपांक नोंद जाल्या प्रतिनिधींक प्रवेश मेळटा. ऑनलायन तिकीट प्रणाली वरवीं प्रतिनिधींक चित्रपट पळोवपाक प्रवेश मेळटा.ते भायर २० ते २४ नोव्हेंबर मेरेन जावपी एनडीएफसी फिल्म बाजारपेठेचे १९वे आवृत्तींतय तांच्या संकेतथळार, व्हीविंग रूम खातीर नोंदणी सुरू जाल्या.

दुबयत आयज आशिया कप टी-20 क्रिकेटाच्या सुपर 4 च्या दुसऱ्या मॅचीत भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण राती 8 वरांचेर सुरू जातली. सर्तींतली ही दोनूय पंगडां मदली दुसरी मॅच आसतली. काल रातीं जाल्ले सुपर फोरचे पयले मॅचींत बांगलादेशान श्रीलंकेक चार विकेटीनी हारयलो.